# नावती हांणी म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याच्या संचालक पदाचो ताबो घेतलो

ता. 15 जानेवारी 2019
25 पौष 1940

गोंय सरकारच्या प्रशासनातले वरिश्ठ नागरी सेवा अधिकारी श्री. नारायण नावती हांणी आयज म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याच्या संचालक पदाचो ताबो घेतलो. श्री. नावती 1987 वर्सा मामलेदार म्हुण सरकारी सेवेत रूजू जाल्ले आनी तेन्ना सावन तांणी पंचायत, महसूल, जिल्होधिकारी, ओबीसी आयोगाचे वेवस्थापकीय संचालक, ग्रामीण विकास आनी प्रशासन अशा साबार विभागांनी काम केला. नोव्हेंबर 2007 त श्री. नावती हांची मुख्य निर्वाचन अधिका-याच्या कार्यालयात जोड मुख्य निर्वाचन अधिकारी म्हुण नेमणूक जाली आनी जानेवारी 2017 त तांका अतिरिक्त मुख्य निर्वाचन अधिकारी पदार बढती मेळ्ळी.

सरकारी सेवेत रूजू जावचे पयली तांणी 1977-1987 वर्सा मेरेन नवहिंद टाईम्स दिसाळयात लेखा अधिकारी म्हुण काम केले. तांणी आकाशवाणी आनी दूरदर्शन केंद्रावयल्यान साबार कार्यक्रम सादर केल्यात. तशेंच दिसाळयांनी लेख आनी कथा बरयल्यात.

मा/वाप/टीएससां/जॉआ/विगा/सुसुका/2019/36